Panaji National 18th June 2025 8.40am

- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी कॅनडाचे  प्रधानमंत्री मार्क कार्नी हांचे बरोबर बसका  द्‌विपक्षीय घेतली.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज अधोरेखित केले की परवडपी, विश्वासार्ह आणि शाश्वत ऊर्जा सुनिश्चित करप हे भारताचे प्राधान्य आसा.
- नागरी विमानन महासंचालनालयान  नवी दिल्लींत जाल्ले उंचेल्या पांवड्यावेले बसकेंत एअर इंडिया आनी एअर इंडिया एक्सप्रेस हांच्या परिचालनाचो नियाळ घेतला.
- भारतीय हवामान खात्यान  आज मेघालय,  झारखंड, आनी ओडिशात काय सुवातींनी दाट उटनगराचो अदमास उक्तायला.
- एफआयएच हॉकी प्रो लीगांत काल रातीं लंडनांत जाल्ल्या खेळांत भारतीय बायलांचो पंगड आर्जेन्टिना आड 1-4 असो हारलो.

PM Canada PM – 60

भारत आनी कॅनडा हांचे मदले द्‌विपक्षीय संबंद अत्यंत महत्त्वाचे आसात  आनी लोकशाय तशेंच मानवता घटमूट करपा खातीर दोनूय देशांनी एकठांय येवन काम करपाक जाय अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. कनानस्किसत  जाल्ल्या जी-7 शिखर सभे वेळार कॅनडाचे  प्रधानमंत्री मार्क कार्नी हांचे बरोबर जाल्ले द्‌विपक्षीय बसकेंत  मोदी हांणी सांगलें, कॅनडांतल्या जायत्या कंपनींनी भारतांत गुंतवणूक केल्या आनी भारतान जायत्या कॅनडियन कंपनींनी गुंतवणूक केल्या.

PM Canada – 90

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी आज अधोरेखित केले की परवडपी, विश्वासार्ह आणि शाश्वत ऊर्जा सुनिश्चित करप हे भारताचे प्राधान्य आसा. कॅनडाच्या कनानास्कीसांत जाल्ल्या 51व्या जी-7 शिखर सभेंत उलयताना मोदी हांणी सांगलें की आर्टिफिशियल इंटेलिजन्स हे एक तंत्रज्ञान जाका व्हड प्रमाणांत ऊर्जेची गरज आसा. तंत्रज्ञानाचेर चलपी समाजाच्यो ऊर्जेच्या गरजो शाश्वतरित्या पुराय करपाचो

मार्ग म्हणजे अक्षय ऊर्जा, अशें तांणी नदरेक हाडलें.प्रधानमंत्र्यांनी असो विश्वास उक्तायलो कीखचेय तंत्रज्ञान तेन्नाच मोलादीक थारतले जेन्ना टाचे फायदे सगळ्या मेरेन पावतले. कॅनडांतल्या कनानास्कीसांत जाल्ल्या जी-7 आऊटरीच समिटांत प्रधानमंत्री मोदी हांणी जी-7 फुडाऱ्यां कडेन मुखेल जागतीक आव्हानां विशीं फलादिक चर्चा केली.

PM G7 tweet – 55

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी कॅनडाची भोंवडी येसस्वीपणांन सोंपयली. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी कॅनडाच्या लोकांचे उपकार मानले आनी जी-7 शिखर परिषद येसस्वीपणान घडोवन हदिल्ले खातीर कॅनडियन सरकाराच्या यत्नांची तोखणाय केली.हया शिखर सभेंत वेगवेगळ्या जागतीक मुद्द्यांचेर फळादीक चर्चा जाली आनी संवसारीक शांतताय, समृध्दी आनी शाश्वतता फुडें व्हरपा खातीर राश्ट्रां कटिबद्ध आसात अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें.

PM Croatia – 90

सायप्रस आनी कॅनडाक भेट दिल्या उपरांत प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आयज दनपारां क्रोएशियाची राजधानी ज़गरेब शारांत पावतले. प्रधानमंत्री हांच्या क्रोएशियाच्या हया इतिहासीक भेटी वेळार भारत आनी हया मध्य आनी आग्नेय युरोपी देश हांचे मदीं उंचेल्या पांवड्यावेली उलोवणी जातली. खचाय भारतीय प्रधानमंत्र्यांची ही पयली क्रोएशिया भेट. हया वेळार मोदी क्रोएशियाचे प्रधानमंत्री एंद्रेज प्लेनकोविक हांचे बरोबर प्रतिनिधी पांवड्यावेली उलोवणी करतले. हया चर्चे उपरांत दोनूय देशां मदीं विज्ञान आनी तंत्रगिन्यान, शेती, संस्कृताय आनी शिक्षण हया मळार चार कबलाती जावपाची शक्यताय आसा.

प्रधानमंत्री आयज सांजवेळा क्रोएशियाचे राष्ट्रपति ज़ोरान मिलनोविच हांची भेट घेतले.

Puri LPG – 80

प्रधानमंत्री उज्ज्वला येवजणे खाला आतां मेरेन देशभरांत 10 कोटी 33 लाख फुकट एलपीजी जोडणी दिल्या अशें केंद्रीय पेट्रोलियम आनी सैमीक वायू मंत्री हरदीप सिंग पुरी हांणी सांगलां. भौशीक क्षेत्रांतल्या तेल विपणन कंपनींच्या आनी पेट्रोलियम मंत्रालयाच्या अधिकाऱ्यांचे बसकेंत ते काल उलयताले. ह्या वेळार उलयतना तांणी सांगलें,देश हरित, शाश्वत आणि प्रगतीशील ऊर्जेच्या स्रोतांचेर लक्ष केंद्रित करून ऊर्जा सुरक्षा उद्दिष्टांकडे वाटचाल करता. हे बसकेंत केंद्रीय मंत्र्यानि देशभरांतल्या 88 हजारां परस चड रिटेल आउटलेटच्या विस्तारीत नेटवर्कांत सौर उर्जेची मुळावी बांदावळ स्थापन करपाचे प्रक्रियेचोय नियाळ घेतलो.

Patel – 50

आयुष्मान भारत डिजिटल मिशन वरवीं डिजिटल भलायकी ecosystem तयार करपाचे दिकेन भारत वाटचाल करता. आकाशवाणी न्यूजाक दिल्ले खाशेले मुलाखतींत भलायकी आनी कुटुंब कल्याण राज्यमंत्री अनुप्रिया पटेल हांणी सांगलें, आतां मेरेन 77 कोटी देशवासियांक आभा आयडी मेळ्ळ्यात. केंद्रीय राज्यमंत्री बरोबरचो पॉडकास्ट आयज सांजवेळा आमचे युट्युब चॅनल NEWSONAIROFFICIAL चेर release जातलो.

VAISHNAW - 65

रेल्वे मंत्री अश्विनी वैष्णव हाणी काल हरियाणात मानेसरांत देशांतल्या सगळ्यांत व्हडल्या गतिशक्ती मल्टी मॉडल कार्गो टर्मिनलाचें उक्तावण केलें. ह्या वेळार उलयतना वैष्णव हांणी सांगलें, 45 एकरांचेर पातळिल्ल्या ह्या मालवाहतूक टर्मिनलात साडे चार लाख वाहनां दवरपाची तांक आसा.

(Byte)

VP – 45

उपराष्ट्र्पती जगदीप धनखड हाणी म्हळां की, विकसित भारत हे फक्त एक स्वप्न न्हय तर एका घटमूट ज्ञान अर्थव्यवस्थेन प्रेरित एक निश्चित ध्येय आसा. पाँडिचेरी विद्यापिठाच्या विद्यार्थ्यां, प्राध्यापक आनी कर्मचाऱ्यां कडेन

संवाद सादतना तांणी देशाक विकसित भारताकडे व्हरपा खातीर तरणाटे आनी विद्यार्थ्यांची महत्त्वाची भूमिका अधोरेखित केली.

(Byte)

REV. AMARNATH-YATRA - 110

जम्मू आणि काश्मीर सरकारान काल अमरनाथ गुहेकडे वचपी सगळे मार्ग यात्रे वेळार नो फ्लाइंग झोन म्हणून घोषित केले. जम्मू आणि काश्मीरचे नायब राज्यपाल मनोज सिन्हा हांच्या आदेशा प्रमाण, प्रमाण फुडल्या म्हयन्याच्या एक तारखे सावन 10 ऑगस्ट मेरेन पहलगाम आनी ताचे भोंवतणी आनी बाल्टाल सयत अमरनाथ यात्रेच्या सगळ्या मार्गांचेर UAVs, ड्रोन आनी बलुनां सयत सगळ्या प्रकारच्या उड्डाणांचेर बंदी घाल्या. पूण, ही बंदी वैद्यकीय बाबी, आपत्ती व्यवस्थापन आणि सुरक्षा दळांच्या देखरेखीचेर लागू जावची ना.

मजगतीं, केंद्रीय गृह सचीव गोविंद मोहन हांच्या अध्यक्षते खाला काल अमरनाथ यात्रे खातीरच्या सुरक्षा तयारी विशी उंचेल्या पांवड्यावेली नियाळ बसका जाली. हिमालयांतल्या 3,888 मीटर उंचायेच्या पवित्र देवळाची वर्सुकी तीर्थयात्रा फुडल्या म्हयन्याच्या 3 तारखेक सुरू जातली आनी 9 ऑगस्टाक रक्षाबंधना निमतान सोंपतली.

DGCA – 105

नागरी विमानन महासंचालनालयान काल नवी दिल्लींत जाल्ले उंचेल्या पांवड्यावेले बसकेंत एअर इंडिया आनी एअर इंडिया एक्सप्रेस हांच्या परिचालनाचो नियाळ घेतला. एअर इंडियान हालींच नोंद केल्ल्या देखरेखी संबंदीत प्रस्नां विशीं डीजीसीएन हुस्को उक्तायला. अभियांत्रिकी, परिचालन, ग्राउंड हँडलिंग युनिटां मदीं अंतर्गत समन्वय घटमूट करपाचो आनी अशा प्रस्नांक लागून प्रवाशांक जावपी कळाव उणो करपा खातीर फावो पुरेश्या सुट्या भागांची उपलब्धता सुनिश्चित करपाचो आनी नियमांक काटेकोरपणे पाळो दिवपाचो सल्लो एअरलाइनाक दिला. हे बसकेंत हालींच हवाई क्षेत्र खास करून इराणी हवाई क्षेत्र बंद जाल्ल्यान जावपी परिणामांचो नियाळ घेतलो. तशेंच डीजीसीएन

एअर इंडियाच्या वाइड बॉडी ऑपरेशनां खातीर हालींचो ऑपरेशनल डेटाचो नियाळ घेतलो, तातूंत बोईंग 787 विमानांच्या ताफ्याचेर खासा लक्ष केंद्रित केले.

IMD – 45

भारतीय हवामान खात्यान (आयएमडी)न आज मेघालय, अस्तंत बंगालात गंगा न्हंयेक लागीं आशिल्ल्या मैदानी भागात, झारखंड, आनी ओडिशात काय सुवातींनी दाट उटनगराचो अदमास उक्तायला. बिहार, छत्तीसगढ, कर्नाटकच्या दर्यादेगेवेल्या वाठारांनी, गुजरात, कोंकण आनी गोंय, मध्य महाराष्ट्र, आनी ईशान्य राज्यांतल्या कांय वाठारांनीय फुडल्या 2-3 दिसांत उटनगराचो पावस पडपाची शक्यताय आसा.

FIH – 45

एफआयएच हॉकी प्रो लीगांत काल रातीं लंडनांतल्या ली व्हॅली हॉकी अँड टेनिस सेंटरांत जाल्ल्या खेळांत भारतीय बायलांचो पंगड आर्जेन्टिना आड 1-4 असो हारलो. दीपिकान हाफ टाईमच्या पयली पेनल्टी कॉर्नर वरवीं भारता खातीर एकमेव गोल करून 1-1 अशी बरोबरी साधली. उपरांत आर्जेन्टिनान आघाडी घेवन मॅच जिखली.